# स्तंभलेखक जोगळेकर हांचे निधन

ता. 21 ऑगस्ट 2017

30 श्रावण 1939

नामनेचे स्तंभलेखक आनी कुर्टी फोंडेच्या दादा वैद्य हायस्कूलचे आनी मडगांवचे दामोदर हायस्कूलाचे आदले मुख्याध्यापक रघूनाथ विनायक जोगळेकर हांचे आयज मडगावा तांच्या घरात सकाळी अल्प आजारान निधन जाले. 89 वर्सां पिरायेचे जोगळेकर एक शिक्षणतज्ञ, गोवा कबड्डी संघटनेचे संस्थापक आशिल्ले. तांणी खो-खो, मल्लखांब, सुर्यनमस्कार, लेजीम खेळाक गोंयात प्रोत्साहन दिले.

तांचे फाटल्यान घरकान्न श्रीमती उषा, पुत श्री. संजय आनी सुमंत असो परिवार आसा.

माहिती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन माहिती सहाय्यक श्री. सिध्देश सामंत हांणी सर्गेस्त जोगळेकराच्या कुडीचेर पुष्पचक्र ओपले.